## समाजाच्या विकासा खातीर बायलांची भुमिका म्हत्वाची आसा- मुख्यमंत्री

ता. 8 जुलय 2025

समाजाच्या विकासा खातीर बायलांची भुमिका म्हत्वाची आसा आनी त्या खातीर सरकारान बायलांच्या सशक्तिकरणा खातीर साबार येवजणांची अंमलबजावणी केल्ली आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज " अनुभूती" ह्या ग्रामीण उदरगती खातीर अर्थीक समावेशन विशयावयल्या तीन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

भारत सरकाराच्या ग्रामीण विकास मंत्रालयान गोंय राज्य ग्रामीण उपजीविका अभियानाच्या सहकार्यान ह्या परिशदेचे आयोजन केला.

मुख्यमंत्र्यांन गोंय राज्य ग्रामीण उपजीविका अभियान (GSRLM) चे म्हत्व आनी उद्दीश्ट सांगतना गरिबी निर्मूलनाची गरज उक्तायली आनी त्या खातीर सरकार ग्रामीण भागांतल्या गरिब लोकांक शाश्वत उपजीविकेचे साधन उपलब्ध करून स्वयंरोजगार आनी उद्देजकता उपक्रमां वरवीं सक्षम करपाचे यत्न करता. बायलांचे आप मजत गट स्थापन करून आनी रोजगाराचे साधन उपलब्ध करून तांची येणावळ वाडोवप आनी जीवनमान सुदारप हो ह्या अभियानाचो उद्देश आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडे सांगलें, की ग्रामीण भागांतल्या लोकांची उपजीविका सुदारपाच्या उद्देशान केंद्र सरकारच्या 18 उपक्रमांची अंमलबजावणी करपी गोंय हे पयले राज्य आसा, सगळ्यां खातीर घरां, हर घर जल, शौचालय, हर घर बिजली, अशां साबार येवजणांचो आस्पाव आसा. सरकारचे हे उद्दिश्ट साध्य करपाक ग्रामीण विकास यंत्रणे कडल्यान मेळपी योगदानाची तोखणाय करून महिला सशक्तिकरण आनी गरिबी निर्मूलना खातीर सगळ्यांनी सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

राज्यसभेचे खासदार श्री. सदानंद शेट तानावडे हांणी ह्या वेळार उलयतना राष्ट्राच्या उभारणीत महिलांची भूमिका म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचें सांगून देशांतल्या महिलांक सक्षम करपाक साबार कार्यक्रम राबोवपाचेर सरकारान भर दिल्ल्याचे सांगलें. गोंय सरकार पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांच्या आत्मनिर्भर भारत, विकसित भारत उद्दीश्टा खातीर कटीबद्द आसून गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपा खातीरय सरकारचे उद्दीश्ट आसा, असें तांणी सागलें.

भारत सरकारच्या ग्रामीण विकास विभागाचे जोड सचीव श्री संजय गोयल, राष्टीय ग्रामीण उपजीविका अभियानाच्यो जोड सचीव डॉ. मोनिका, भारत सरकारच्या ग्रामीण विकास मंत्रालयाच्यो जोड सचीव श्रीमती स्मृती शरण, राष्ट्रीय अभियान वेवस्थापक श्री अनिल कुमार, डीआरडीए -एनआरएलएमचे उपसंचालक श्री रमन वाधवा, डीआरडीएच्यो प्रकल्प संचालक (दक्षीण गोंय) श्रीमती दिपाली नाईक आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातेक संचालक (आरडीए) श्री प्रेमराज शिरोडकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/592

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.